Panaji National 31st August 2025 6.30pm

देशाक वोकल फॉर लोकल ह्या मंत्रान आत्मनिर्भर भारत आनी विकसीत भारताच्या ध्येया कडेन मुखार वचपाक जाय अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां. तांणी आयज आकाशवाणी वेल्या मन की बात कार्यावळींत म्हणलें,सणासुदीच्या काळात देशवासीयांनी स्वदेशी विसरूंक फावना.

सणाच्या आनंदात नितळसाणेचेर भर दिवपाक जाय कारण जंय नितळसाण आसता थंय उत्सवांचो आनंदूय वाडटा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. एक भारत श्रेष्ठ भारताची भावना देशाचे उदरगती खातीर खूब म्हत्वाची आनी तातूंत खेळांचो व्हड वांटो आसा अशें तांणी सांगलें.

प्रधानमंत्र्यांनी डिजिटल प्लॅटफॉर्म प्रतिभा सेतूचो उल्लेख केलो, जातूंत यूपीएससीच्या वेगवेगळ्या परीक्षांचे सगळे टप्पे उत्तीर्ण जाल्ल्या पूण अंतिम गुणवत्ता यादीत तांचे नाव येवंक नाशिल्ल्या उमेदवारांचो डेटा आसा. तांणी म्हळें, या पोर्टल वरवीं खाजगी कंपनि ह्या होनहार विद्यार्थ्यांची माहिती मेळोवंक शकतात आणि तांका नोकरी दिवपाक शकतात.

रामायण आणि भारतीय संस्कृतीचे प्रति प्रेम आता जगाच्या कानाकोपऱ्यात वाढता अशे प्रधानमंत्र्यांनी सांगले.

भारतीय संस्कृतायेचो प्रभाव संवसारांतल्या ल्हान शारांनी लेगीत पळोवंक मेळटा अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें.

15 सप्टेंबराक भारताचे व्हड इंजीनियर मोक्षगुंडम विश्वेश्वरैय्या हांची जयंती. आमी तो दिस इंजीनियर दिस म्हणून मनयतात अशें प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें. तांणी म्हणलें, इंजीनियर फकत मशीन तयार करिनात, तर ते सपनांक

वास्तवांत रुपांतरीत करपी कर्मयोगी आसतात. भारतांतल्या दरेका इंजिनीयरांची प्रधानमंत्र्यानि  कौतुक केले. विश्वकर्मा जयंती 17 सप्टेंबराक आसा, अशे तांणी सांगले. हो दीस देशांतल्या विश्वकर्मा बांधवांक समर्पित आसा  अशे मोदी हाणी म्हळें.

Amit Shah – 30

केंद्रीय गृह आनी सहकार मंत्री अमित शाह आयज अहमदाबाद आनी गांधीनगराक अधिकृत भेटीचेर आसात. ह्या वेळार ते  भौशीक कल्याण आनी शार उदरगती संबंदीत जायत्या कार्यावळींनी वांटो घेतले.

Posts USA – 60

अमेरिकेंत वचपी पत्रां, कागदपत्रां आनी 100 डॉलर मेरेन मोलाचीं भेटवस्तू वस्तू सयत सगळ्या वर्गांतल्या मेलांचें बुकींग सरकारान पुरायपणान स्थगीत केलां.

अमेरिकेत वचपी टपालाच्यो वाहतुकीतल्यो सततच्यो अडचणी आणि नियामक यंत्रणांचे अभाव लक्षात घेवन हो निर्णय घेतला अशें टपाल खात्यान एका निवेदनांत सांगलां.परिस्थितीचेर बारीकसाणेन नदर दवरन आसात आनी बेगीनांत बेगीन सेवा पूर्ववत करपाक यत्न सुरू आसात अशें तातूंत म्हणलां.

IMD – 60

हवामान खात्यान आयज अस्तंत उत्तर प्रदेश, पंजाब, हरियाणा, चंडीगढ, उदेंत राजस्थान, हिमाचल प्रदेश आनी उत्तराखंडांत दाट उटनगराचो अदमास उक्तायला. आसाम, मेघालय, नागालँड, मणिपूर, मिजोरम आनी त्रिपुरा, छत्तीसगढ, गुजरात, मध्य प्रदेश, उत्तराखंड आनी विदर्भात गडगड आनी खर वारें सयत पावस पडपाची शक्यताय आसा. तशेंच दिल्ली, मुजफ्फराबाद, कोंकण आनी गोंय, मध्य महाराष्ट्र, ओडिशा, अस्तंत बंगाल, सिक्किम आनी तेलंगनात घोग्यांनी पावस पडूं येता.

Hockey – 60

आयज बिहारांतल्या राजगीरात जाल्ले आशिया कप हॉकी चॅम्पियनशिपांत भारतान जपानाक 3-2 अशे हारयलो. ह्या जैताक लागून भारतीय पंगड सुपर-4 त पावला. पयले मॅचींत चीनाक हारयल्या उपरांत, ह्या दुसऱ्या जैतान भारतान पूल अ पॉयंट

टॅबलात पयली सुवात मेळयल्या. यजमान पंगडा खातीर कर्णधार हरमनप्रीत सिंगान दोन गॉल जाल्यार मनदीप सिंगान एक गोल केलो.

ह्याच गटाच्या आनीक एका मॅचींत चीनान कझाकस्तानाचो 13-1 असो पराभव केलो.